NEHRU BAL PUSTAKALAYA

मिता आनी ताचे जादुचे मोचे

बी. जी. गुज्जरप्पा



ISBN 81-237-1954-X

पयली आवृत्ती 1996 (शक 1918)

© बी. जी. गुज्जरप्पा, 1990

Mitha and Her Magic Shoes *(Konkani)*

रु. 7.00

हे पुस्तक संचालक, नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया, ए-5, ग्रीन पार्क, नवी दिल्ली-110 016 हाणी उजवाडायलं.

एकः सूते सकलम्

नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया

नेहरू बाल पुस्तकालय

मिता आनी ताचे जादुचे मोचे

मूळ बरोवपी
बी. जी. गुज्जरप्पा

अणकारपी
हेमा नायक

मिता सदांच उडपाचीं सपनां पळयतालें आनी एक दीस
शाळेतल्यान परतता आसतना

ताका मोच्यांचो एक जोड दिसलो.
त्या मोच्यांक पांखां आशिल्लीं.



मिताने मोचे पायांत घाले.

आनी सवण्याभाशेन तें उडटा.

तें खूब खूब उडटा-पुरो जाईसर.

घरा येतकच, जादुच्या मोच्यांची खबर तें आपणाल्या आवयबापायक सांगता.

सकाळीं मिता शाळेंत वचपाक
भायर सरता.

तें उडटा तें पळोवन
ताच्या संवगडयांक
अजाप जाता.

पूण मोच्यांखातीर ताची टीचर खोशी नाशिल्ली.

आनी रोखडेच मिताचे संवगडी ताचो दुस्वास करूंक लागले. ते ताचेकडेन उलयना जाले.

तांकांय उडपाक मेळचें म्हण मितान आपले मोचे तांकां दिले आनी खूश केले.

पूण मोच्यांखातीर ताचे संवगडी एकामेकांकडेन झगडूंक लागले.

मोचे पिंजून कुडके कुडके जाले

मिता रडपाक लागलें. ताचे संवगडी ताका थातारूंक लागले.

ताचेकडेन मोचे आशिल्ले तेन्ना तागेले कितलेशेच संवगडी ताचेपासून पयस गेले.
आतां ताचेकडेन मोचे ना देखून मिता खोशी आसा.

Printed at Diamond Lithographers.

रु. 7.00

नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया